आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

Date:18/03/2025 6.30 PM

110

देशाच्या इतिहासांतली एक म्हत्वाची घडणूक म्हूण महाकुंभ 2025chi नोंद जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज लोकसभेंत सांगलें. ह्या व्हड मेळाव्यांत कोट्यानी भाविक वांटेकार जावन विविधतायेंत एकचार हे भारताचे खाशेलपण संवसारान पळयले अशें तांणी सांगलें. जेन्ना पुराय संवसार आव्हानात्मक काळांतल्यान वता तेन्ना एकचाराचें हें भव्य प्रदर्शन देशाचें सगळयांत व्हडलें बळगें आसा . अशे तरेचे उत्सव आमच्यो परंपरा आनी दायज सांबाळपाची आनी प्रचार करपाची भावना घटमूट करता अशें तांणी मुखार सांगलें. भारतांत जायत्यो न्हंयो आसात आनी तातूंतल्यो कांय न्हंयो धोक्यांत आसात अशें उदका संवर्धनाचे म्हत्व उक्तायतना ताणा म्हळा . महाकुंभांतल्यान ऊर्बा घेवन न्हंय ऊत्सवाचो विस्तार करपाच्या गरजेचेर तांणी भर दिलो. हाका लागून नवे पिळगेक उदक जतनाये चे म्हत्व कळतले अशें प्रधानमंत्र्यानी म्हटला.

100

विदेश वेव्हर मंत्री एस.जयशंकर हांणी नितळ आनी घटमूट आंतरराष्ट्रीय वेवस्थेच्या गरजेचेर भर दिलो . घटमूट जागतीक वेवस्था नाशिल्ल्यान बळिश्ट देशांक फायदो जाताच पूण ल्हान देशांक जोखीम घेवपाक आनी स्थापन केल्ल्या नेमांक आव्हान दिवपाकय मेळटा अशे आयज नवी दिल्लींत रायसीना संवादावेळार उलयतना तांणी सांगलें.

पाकिस्तानान काश्मीराचेर बेकायदेशीर कब्जो केल्ल्याचो उल्लेख करून डॉ जयशंकर हांणी भारताच्या सार्वभौमत्व आनी प्रादेशिक अखंडतेचे म्हत्व उक्तायले. तशेच म्यानमार आनी अस्तंतेंतल्या लश्करी बंडाचेर वेगवेगळे प्रतिसाद नोंद करून संवसारीक नेमांत न्याय आनी सुसंगतीच्या गरजेचेर तांणी भर दिलो. फाटल्या आठ दशकांत संवसारीक वेवस्थेचो पुराय नियाळ घेवपाचो उलो तांणी मारलो आनी संवसारांतल्या बदलत्या सत्तेच्या समतोलाक मान्यताय दिवपाचो उलो तांणी मारलो.

60

लोकसभा वा राज्य विधानसभेखातीर मतदान पुराय जाले उपरांत 48 वरां भितर दरेका मतदान केंद्राचो डेटा आयोगाच्या संकेतथळार उजवाडावचो अशी मागणी विचारांत घेवपाक तयार आसा अशें वेंचणूक आयोगान सर्वोच्च न्यायालयाक सांगलां. फुडल्या धा दिसां भितर हे संबंदी आयोगा मुखार सादरीकरण करपाचो निर्देश सर्वोच्च न्यायालयान याचिकादारांक दिला. तृणमूल काँग्रेसीचो खासदार महुआ मोइत्रा हाणी हे संबंदी दोन लोकहित खटले दाखल केल्ले. फुडली सुनावणी आतां जुलयांत जातली.

30

नवी दिल्लींत चालू आशिल्ल्या रायसीना संवादांचे निमंत्रणाखातीर  अमेररकीची गुप्तचर मुखेली तुलसी गबार्ड हांणी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानले. भारत भेटी वेळार वेगवेगळ्या विशयांचेर सकारात्मक चर्चा जाल्या  अशें ताणीसांगलें.

70

शिमेभायरल्या वेव्हाराखातीर थळाव्या चलनाचो वापर करपाक उर्ब दिवपा हेतान भारतीय रिझर्व्ह बँक – आनी बँक ऑफ मॉरिशस हाणी  समजिकायेच्या कबलातीचेर सयो केल्यात. आरबीआयच्या म्हणण्या प्रमाण भारतीय रुपया आनी मॉरिशस रुपयाचो द्विपक्षीय वेपारांत वापर करपाक सोंपें करप हो हे कबलातिचो हेत आसा. हाका लागून सगल्या नागरिकांक आपापल्या देशाच्या चलनांत फारीकणी करपाक मेळटली. तशेच भारत आनी मॉरिशस हांचे मदलो वेपार वाडटलो आनी दोनूय देशां मदले इतिहासीक, संस्कृतीक आनी अर्थीक संबंद घटमूट जातले.

80/110

रेल्वेची मुळावी बंदावळ सुदारपा खातीर आनी प्रवाशांक सोयीचे आनी परवडपी प्रवासाची वेवस्था कारपाखतिर सरकारन जायती पावला उबरल्यात अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. फाटल्या धा वर्सांत रेल्वेन पांच लाख नोकऱ्यो दिल्यात आनीक एक लाखां परस चड नोकऱ्यां खातीर भरती प्रक्रिया सुरू आसा अशी म्हायती  रेल्वे मंत्रालयाच्या कार्याविशीं लोकसभेंत जाल्ले चर्चेक जाप ताणी दिली . 2020 वर्सा सावन देशांत प्रवाशांच्या भाड्यांत वाड जावंक ना आनी हेर देशां परस तें खूब उणे आसात तशेच देशांतले रेल्वे अपघात उणे करपाचेर सरकाराचें लक्ष आसा  अशें तांणी सांगलें. भारतीय रेल्वे इलॅक्ट्रॉनीक इंटरलॉकिंग आनी धुकें सुरक्षेविशी साधनांचो वापर करूनआपले  सेवेत  सतत सुदारता करता अशें श्री वैष्णव हांणी सांगलें. भारत रेल्वेची व्हड निर्यात करपी देश जाला अशें तांणी सांगलें.

40

इटलीच्या ट्युरिनांत जाल्या विशेश ऑलिंपिक खेळां सरतित वांटेकार जल्या  भारतीय पंगडाची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भेट घेतली आनी तांच्या कामगिरीची तोखणाय केली. खाशेल्या ऑलिंपिक खेळांत 33 पदकां जिखून देशाक वैभव हाडपी भारतीय पंगडाचो आपणाक अभिमान आसा अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी म्हळा.

55

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर ओडिशातल्या काय  सुवातीनी उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेच दर्यादेगेवेल्या गुजरात, कोंकण, गोंय आनी उत्तर कर्नाटकात  उश्ण आनी दमट हवामान पातळपाची शक्यताय अशे . हवामान खात्यान सांगला . आयज ईशान्य राज्य सयत ओडिशा, तमिळनाडू,

पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे आनी दक्षिण कर्नाटकांतल्या कांय वाठारांनी गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास आसा अशे imd म्हळा .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.  आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  नमस्कार